# Panaji national news 28 dec 2025.6.30 pm

**मान की बात**

अंदू भारतान राष्ट्रीय सुरक्षा सावन खेळां, विज्ञान प्रयोगशाळा ते संवसारांतल्या व्हडल्या मंचा मेरेन सगळेकडेन बळिश्ट छाप सोडल्या अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. आयज आकाशवाणीचेर केल्ल्या मान की बात कार्यावळींत राष्ट्राक संबोधीत करतना प्रधानमंत्री हांणी 2025 वर्सा फाटीं पळयलें आनी तातूंतल्यान दरेका भारतीयाक अभिमान बाळगपाक जायते खीण मेळ्ळे. 'ऑपरेशन सिंदूर' हें ह्या वर्सा दरेका भारतीयाक अभिमानाचें प्रतीक जालें अशें तांणी सांगलें. आयचो भारत आपले सुरक्षेचेर तडजोड करीना हें संवसाराक स्पश्टपणान दिसून आयलें अशें तांणी सांगलें. वंदे मातरमाच्या 150व्या वर्धापन दिसा खातीर लोकांनी हीच भावना आनी उमेद दाखयल्ली श्री मोदी हांणी तोखणाय केली.तांणी लोकांक आपले संदेश आनी सुचोवण्यो '#VandeMataram150' ह्या नांवान धाडपाची विनंती केल्ली आनी देशांतल्या लोकांनी हे मोहिमेत वांटो घेतिल्ल्याची खोस उक्तायिल्ली. खेळां मळारय 2025 हें याद उरपासारकें वर्स अशें प्रधानमंत्र्यान टिप्पणी केली. भारतीय दादल्यांच्या क्रिकेट पंगडान आयसीसी चॅम्पियन्स ट्रॉफी जिखली. बायलांच्या क्रिकेट पंगडान पयलेच खेपे संवसारीक सर्त जिखली. भारताच्या धुवांनी बायलांचो ब्लाइंड टी-20 विश्वचषक जिखून इतिहास निर्माण केलो अशें श्री मोदी हांणी सांगलें. आशिया कप टी-20 सर्तींतय तिरंगी अभिमानान उंच उडयता अशें तांणी फुडें सांगलें. तशेंच संवसारीक सर्तींत जायतीं पदकां जिखून पॅरा खेळगड्यांची तोखणाय केली.

**राष्ट्रपती गोंय** 80

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी कारवारा नौदळाच्या तळाचेर पाणबुडीतल्यान (सबमरीन बोट) सफर केली. भारतीय नौदळाच्या कलवरी बनावटीच्या आयएनएस वग्शीर पाणबुडीतल्यान नौदळाचे मुखेली ॲडमीरल दिनेश त्रिपाटी हांचे सयत राष्ट्रपतींनी ही सफर केली.हाचे पयली आदले राष्ट्रपती एपीजे अब्दुल कलाम हांणी नौदळ तळाचेर पाणबुडीतल्यान सफर केल्ली. हाका लागून नौदळाच्या जवानां सयत पाणबुडीतल्यान सफर करपी द्रौपदी मुर्मु ह्यो दुसऱ्यो राष्ट्रपती थारल्या.राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मु हांचे शनवारा गोंयांत आगमन जाले. आयतारा सकाळी आयएनएस हंसा तळाचेर तीणे नौदळाच्या जवानां कडल्यान मानवंदनेचो स्वीकार केलो. उपरांत तीणे कारवारा नौदळ तळाक भेट दिली.

**अमित शाहान**

भारतीय वैजकी संघटनेन वैजकी मळार सगळ्यांत चड योगदान दिलां अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहान सांगलां. आयज अहमदाबादांत इंडियन मेडिकल असोसिएशनान आयोजीत केल्ल्या आयएमए नेटकॉन 2025 ह्या कार्यावळीक संबोधन करतना श्री शाहान सांगलें, आयुष्मान भारत येवजणेन देशांत व्हडलो बदल घडोवन हाडला. कोरोनाच्या काळांत सेवा दिवपी दोतोरांनी दुयेंतींक प्राधान्य दिल्लें अशें तांणी सांगलें. श्री शाह शाह आयज अहमदाबाद पालिका म्हामंडळान बांदिल्ल्या निचरा नळमार्ग आनी एसजी हायवे पायलट प्रकल्पाच्या पयल्या टप्प्याचें उक्तावण करतले.

**जेटलीचे जयंती श्रद्धांजली**

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहान आयज आदले अर्थमंत्री अरुण जेटलीचे जयंती दिसा श्रद्धांजली दिली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री शाहान अरुण जेटलीक अतुलनीय घटनात्मक, कायदेशीर तज्ञ आनी उत्कृश्ट वक्ते अशें म्हणलां. सरवस्त फुडाऱ्यान संसदेचो वांगडी म्हणून अमिट दायज सोडलो आनी जायत्या म्हत्वाच्या कायदेशीर प्रस्नांचेर ताणें दिल्ल्या योगदाना खातीर ताची याद उरतली अशें तांणी सांगलें. आपल्या तीक्ष्ण कायदेशीर कुशळटायेन पक्ष घटमूट करपाची अरुण जेटलीची समर्पीत भुमिका काळाची दरेक परिक्षा सोंसून जियेतली अशें गृहमंत्री हांणी सांगलें.